prepp

Practice, Learn and Achieve
Your Goal with Prepp

# UGC NET Exam

**Konkani**

Simplifying
**Government Exams**

SSC CHSL | IAS EXAM | RRB NTPC | NTSE | CDS
SSC CGL | CBSE UGC NET | IBPS PO | NDA
SBI PO | IBPS CLERK | AFCAT | SSC JE | CTET
CSIR UGC NET | CAPF | IBPS RRB

www.prepp.in

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) __________________________

   (Name) ____________________________

2. (Signature) __________________________

   (Name) ____________________________

OMR Sheet No. : ......................................

(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | |

(In figures as per admission card)

Roll No.______________________________

(In words)

**J 8 5 1 0**

**Test Booklet No.**

Time : **1 1/4** hours]

# PAPER-II
# KONKANI

[Maximum Marks : **100**

Number of Pages in this Booklet : **8**

Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the Test Booklet Number should be entered in the OMR Sheet and the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the oval as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ● (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **Answer Sheet given inside the Paper I Booklet only.** If you mark at any place other than in the ovals in the Answer Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your name or put any mark on any part of the test booklet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and OMR Answer sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद प्रश्न-पुस्तिका की क्रम संख्या OMR पत्रक पर अंकित करें और OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के दीर्घवृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** (A) (B) ● (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये उत्तर-पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप उत्तर पत्रक पर दिये गये दीर्घवृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप उत्तर-पुस्तिका पर अपना नाम या ऐसा कोई भी निशान जिससे आपकी पहचान हो सके, किसी भी भाग पर दर्शाते या अंकित करते हैं तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित कर दिये जायेंगे ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं OMR उत्तर-पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पैन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई अंक काटे नहीं जाएँगे ।**



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

# KONKANI
# कोंकणी
## Paper – II
## प्रश्नपत्र – II

**Note :** This paper contains **fifty (50)** objective type questions, each question carrying **two (2)** marks. Attempt all the questions.

**सूचना :** इस प्रश्नपत्र में **पचास (50)** बहु-विकल्पीय प्रश्न हैं । प्रत्येक प्रश्न के **दो (2)** अंक हैं । सभी प्रश्नों के उत्तर दें ।

**सुचोवणी :** ह्या प्रस्नपत्रांत वट्ट **पन्नास (50)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात. दर एका प्रस्नाक **दोन (2)** गूण आसा. सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.

**सुचोवण्यो :**
(i) ह्या प्रस्न-पत्रांत वट्ट पन्नास (50) भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे कुशीक दिल्ल्या A, B, C, D च्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरांत दिवंची.
(iii) दर प्रस्नाचे सारके जापेक दोन गूण दवरल्यात.
(iv) सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो दिवंच्यो.

**1.** कादंबरी आनी ती बरोवपी लेखक हांच्या नावांचो मेळ घालात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| (1) | खोल खोल मुळां | (5) | नं. घ. बोरकार |
| (2) | गांठवल | (6) | हेमा नायक |
| (3) | गोंदू | (7) | महाबळेश्वर सैल |
| (4) | भोगदंड | (8) | ज्योती कुंकळेकार |
| | | (9) | देविदास कदम |

(A) 1 – 7; 2 – 9; 3 – 5; 4 – 6
(B) 1 – 9; 2 – 9; 3 – 6; 4 – 8
(C) 1 – 5; 2 – 8; 3 – 5; 4 – 6
(D) 1 – 7; 2 – 9; 3 – 6; 4 – 8

**2.** हातूंतली खंयची भास कोंकणीची भयण भास न्हय ?
(A) सिंहली (B) नेपाळी
(C) सिंधी (D) मुंडारी

**3.** खंयचें विधान बरोबर आसा ?
(A) 'अच्छेव' पुंडलीक नारायण नायक हांणी बरोवंक ना.
(B) 'ब्रह्मांडातलें तांडव' कथा झेलो आसा.
(C) 'साहित्य स्वाध्याय' ह्या पुस्तकांत लेखकान साहित्याविशीं चिंतन केलां.
(D) पुर्तुगेज लोक गोंयात भोंवडी करपाक आयिल्ले.

**4.** 'कोंकणी कथा मराठींत' ह्या पुस्तकाचें संपादन कोणें केलां.
(A) श्याम वेरेंकार
(B) पुंडलीक नायक
(C) एन शिवदास
(D) डॉ. किरण बुडकुले

**5.** लोकधर्म आनी नाट्यधर्माची मांडणी हातूंतल्या कोणे केल्या ?
(A) आचार्य मम्मट
(B) आचार्य अभिनव गुप्त
(C) आचार्य भरतमुनी
(D) आचार्य दण्डी

**6.** हातूंतलें खंयचें नाटक पुंडलीक नायक हांचें न्हय ?
(A) खणखण माती
(B) रक्तखेव
(C) सत्य माड्डीतां माड्डीतां
(D) सुरींग



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

**7.** 1. 'महाभारत' पुस्तक रवीन्द्र केळेकार हाणी बरयलां.

2. तोमाझीन कार्दोज हांकां भारतीय भाषा सन्मान फावो जाला.

(A) वयलीं दोनूय विधानां चूक आसात.

(B) वयलीं दोनूय विधानां बरोबर आसात.

(C) दुसरें चूक आसा. पयलें विधान बरोबर आसा.

(D) पयलें विधान चूक आसा. दुसरें बरोबर आसा.

**8.** 'मातयेचो मोग' ही कादंबरी कन्नड भाशेतल्यान कोंकणीत कोणें अणकारीत केल्या ?

(A) रमेश लाड

(B) यशवंत पालेकार

(C) आर.के. राव

(D) गोकुळदास प्रभू

**9.** पाय तियात्रीश्त हांचें पुराय नांव खंयचें ?

(A) लुकासीन रिबैर

(B) जुवांव आगुस्तीन डिसौजा

(C) जुआंव आगुस्तीन फॅर्नांदीश

(D) जॉन क्लार फॅर्नांदीश

**10.** 'रणमालें' हें लोकनाट्य गोंयच्या खंयच्या तालुक्यानी सादर जाता ?

(A) दिवचल आनी पेडणें

(B) सत्तरी आनी केपें

(C) सत्तरी आनी सांगें

(D) बार्देस आनी तिसवाडी

**11.** एका उतरांत एका परस अदीक रूपीमां आसतात आनी तांच्यो शिमो सोंपेपणान वेगळांव येतात. हे तरेच्या भासांक कितें म्हणटात ?

(A) विकारी भासो.

(B) चिकटण्यो भासो.

(C) वेगळावण्यो भासो.

(D) अविकारी भासो.

**12.** पुर्तुगालाच्या ब्रागा शारांतल्या भौशीक ग्रंथालयांत कोंकणी हातबरपां पयलीं वयलीं कोणाक मेळ्ळीं ?

(A) जुझे परेरा

(B) पांडुरंग पिसुर्लेकार

(C) मारयान सालदान्य

(D) ओलिव्हीन्यु गोमीश

**13.** ती हळू हळू चलता. ह्या वाक्यांत 'हळू हळू' शब्दाची जात सांगात.

(A) विशेशण (B) सर्वनाम

(C) क्रियाविशेशण (D) क्रियापद

**14.** 'संवसारांत दोनूच जाती. चिड्डल्ले आनी चिड्डुपी' अशें खंयच्या कवीन म्हळां ?

(A) मनोहरराय सरदेसाय

(B) र.वि. पंडित

(C) बाकिबाब बोरकार

(D) पांडुरंग भांगी

**15.** सकयल दिल्ल्या पुस्तकांतलें खंयचें पुस्तक डॉ. जयंती नायक हांचें ?

(A) लोकसरीता

(B) गोमंतकीय लोकवाद्ये

(C) धालो

(D) कणेर खुंटी नारी

**16.** तुलनात्मक वाङ्मय विद्येचो अभ्यास करपी पयलो वयलो भारतीय जाणकार कोण ?

(A) सुनीतिकुमार चटर्जी

(B) आय.जे.एस. तारापोरवाला

(C) सिद्धेश्वर वर्मा

(D) रामकृष्ण गोपाळ भांडारकर

**17.** सकयल दिल्ले कथासंग्रह आनी तांच्या लेखकांच्यो जोड्यो लायात :

| | |
|---|---|
| (1) गांथन | (5) चंद्रकांत केणी |
| (2) निवलकाणयो | (6) तुकाराम शेट |
| (3) बहुरत्ना वसुंधरा | (7) अ.ना. म्हांबरो |
| (4) धर्तरेचो स्पर्श | (8) दामोदर मावजो |
| | (9) वसंत भगवंत सावंत |

(A) 1 – 8; 2 – 5; 3 – 7; 4 – 6

(B) 1 – 6; 2 – 9; 3 – 7; 4 – 8

(C) 1 – 5; 2 – 6; 3 – 7; 4 – 8

(D) 1 – 8; 2 – 9; 3 – 5; 4 – 6



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

18. हातूंतलें खंयचें नेमाळें मंगळुरच्यान उजवाडाक येता ?
(A) राखणो (B) गुलाब
(C) कोंकण टायम्स् (D) उजवाड

19. शणै गोंयबाबाल्या मतान साश्टींतलो लोटली गांव कोणाली मूळभूंय ?
(A) कदंबाची
(B) शिलाहारांची
(C) राष्ट्रकुटांची
(D) विजयनगरच्या राज्याची

20. कवितेच्यो वळी आनी कवी हांच्यो जोड्यो लायात :

| | |
|---|---|
| (1) निस्सार जाल्या जीण म्हजी पेज अळणी उल्ल्या | (5) प्रकाश पाडगांवकार |
| (2) गाडी तुजी माडार चडाय ही लोकशाय | (6) जे.बी. मोरायस |
| (3) नखऱ्याच्या ह्या बाजारांत ही रूपेस्त चली कोणाली ? | (7) चा.फ्रा. डिकॉस्ता |
| (4) म्हजे भितरलो पिलात आयज परत्यान हात धुता. | (8) मनोहरराय सरदेसाय |
| | (9) बयाभाव |

(A) 1 – 7; 2 – 6; 3 – 8; 4 – 9
(B) 1 – 7; 2 – 8; 3 – 5; 4 – 6
(C) 1 – 9; 2 – 5; 3 – 8; 4 – 6
(D) 1 – 6; 2 – 9; 3 – 7; 4 – 5

21. शशांक सीताराम हांच्या 'प्रस्न' पुस्तकाच्या आदारान खंयचें विधान बरोबर आसा ?
(A) 'प्रस्नां' तल्या पावणीकारान देवाल्या कपड्यांची पावणी करपाची थारायल्या.
(B) 'प्रस्नां' तल्या पावणीकारान मनीसपणाची पावणी करपाची थारायल्या.
(C) 'प्रस्नां' तल्या पावणीकारान देवाल्या भांगराची पावणी करपाची थारायल्या.
(D) 'प्रस्नां' तल्या पावणीकारान माटवांतल्या वस्तुंची पावणी करपाची भारायल्या.

22. पाश्चात्य काव्य शास्त्रांत उदात्तीकरण सिद्धांत कोणे दिलो ?
(A) प्लेटो (B) लाँजाइनस
(C) रिचर्ड्स (D) ॲरिस्टॉटल

23. मॅलवीन रोड्रीगीज हांच्यो कविता कोंकणीचे खंयचे मोडीत आसात ?
(A) मंगळुरी (B) बार्देशी
(C) कुडाळी (D) कारवारी

24. हातूंतलें खंयचें विधान बरोबर आसा ?
(A) समेस्त कोंकणी लोकांक भाशीक सुत्रान संघटीत करचे खातीर 1939 वर्सा कारवार हांगा पयली कोंकणी परिशद घडोवन हाडली.
(B) विशाल गोमन्तकाची मागणी करचे खातीर 1939 वर्सा करवार हांगा पयली कोंकणी परीशद घडोवन हाडली.
(C) कोंकणी भाशेक राज्यभाशेचो मान मेळोवन दिवपाक 1939 वर्सा कारवार हांगा पयली कोंकणी परीशद घडोवन हाडली.
(D) गोंयात आशिल्ल्या पुर्तुगेजांक धावंडावन घालपाक 1939 वर्सा कारवार हांगा पयली कोंकणी परीशद घडोवन हाडली.

25. उतरांच्यो भाशेकडेन जोड्यो लायात :

| | |
|---|---|
| (1) किलींडर | (5) मूळ फारसी |
| (2) आका | (6) मूळ मुंडारी |
| (3) फस्क | (7) मूळ पुर्तुगेज |
| (4) बेकार | (8) मूळ इंग्लेज |
| | (9) मूळ कन्नड |

(A) 2 – 9; 3 – 7; 4 – 5; 1 – 8
(B) 4 – 5; 1 – 8; 2 – 9; 3 – 7
(C) 1 – 8; 2 – 9; 3 – 7; 4 – 5
(D) 3 – 7; 4 – 5; 2 – 9; 1 – 8

26. मूल्य आनी संप्रेषण सिद्धांत कोणाचो ?
(A) लाँजाइनस
(B) आय.ए.रिचर्ड्स
(C) ॲरिस्टॉटल
(D) टी.एस. इलियट



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

27. हातूंतलें खंयचें उतर शुद्धलेखनाच्या नदरेन बरोबर आसा ?

(A) भिरमुटी (B) भीरमूटी

(C) भीरमुटि (D) भिरमूटी

28. कोंकणी खातीर केंद्रीय साहित्य अकादमीचो पयलो साहित्य पुरस्कार जोडपी बायल लेखीका कोण ?

(A) हेमा नायक

(B) मीना काकोडकार

(C) जयंती नायक

(D) शीला कोळंबकार

29. वाक्प्रचारांचो अर्थाचे नदरेन मेळ घालात

| | |
|---|---|
| (1) कानार केंस काडप | (5) फॅशन करप |
| (2) फुलां माळप | (6) पळोवप |
| (3) उजरावन काडप | (7) आयकूंक नाशिल्लेवरी करप |
| (4) नळी काडप | (8) तापोवप |
| | (9) गरजे भायर तुस्त करप |

(A) 1 – 5; 2 – 9; 3 – 6; 4 – 8

(B) 1 – 9; 2 – 5; 3 – 8; 4 – 6

(C) 1 – 6; 2 – 8; 3 – 5; 4 – 9

(D) 1 – 7; 2 – 9; 3 – 8; 4 – 6

30. हातूंतल्या खंयच्या भासविज्ञानिकाचो भास-विचार चल-चलणुकवादाचे बुन्यादीचेर उबो आसा ?

(A) फेर्दिना द सोस्यूर

(B) नोअम च्यॉमस्की

(C) लेनर्ड ब्लूमफिल्ड

(D) रोमान योकोप्सन

31. हातूंतलें खंयचें विधान चूक आसा ?

(A) कोंकणींतलीं कांय विशेशणां नामाच्या लिंगा वचना प्रमाण बदलतात.

(B) कोंकणीत क्रियापदां नाशिल्लीं वाक्यां आसात.

(C) कोंकणीत वाक्यांतल्या उतरांचो क्रम हेवटेन तेवटेन केल्यार वाक्य चूक जायना.

(D) क्रियाविशेशणां सगळीं अव्ययांत मोडटात.

32. पुस्तक उजवाडणेचो क्रम थारायात

(1) वनवाळ्याचो मळो

(2) सांत आन्तोनिचीं अचर्यां

(3) दौत्रीन क्रिस्ता

(4) देवाचीं एकांग्र बोलणी

(A) 2, 3, 4, 1 (B) 1, 2, 4, 3

(C) 3, 2, 1, 4 (D) 4, 1, 2, 3

33. 'जांची आवय भास कोंकणी तांणी तिचे कडेन तिरस्कारान पळोवंपाचें सोडून दिवन तिच्या अभ्यासाच्या कामाक लागचें' हो उलो मारपी पयलो वयलो कोण ?

(A) कुज्य रिव्हार

(B) रूडोल्फ दाल्गाद

(C) काकासाहेब कालेलकार

(D) शणै गोंयबाब

34. खंयचें विधान चूक आसा ?

(A) 'आब्रांवाचें यज्ञदान' नाट्य काव्य आसा.

(B) 'कोंकणी महाभारत' पद्यात्मक आसा.

(C) 'हांव बाजारांत वयतां' हें वाक्य बरोबर आसा.

(D) नागेश करमली स्वातंत्र्य सैनीक आसा.

35. 'होर तुस् इन्डिकस् मलबारिकस्' ह्या 12 खंडानी उजवाडायल्ल्या ग्रंथात कोंकणी देवनागरी लिपयेंत प्रमाणपत्र दिवंपी कोचीचे तीग वैद्य कोण ?

(A) रंग पंडित, विनायक भट्, अप्पुभट्

(B) अप्पु भट्, विनायक पंडित, रंग भट्

(C) विनायक भट्, अप्पु पंडित, रंग भट्

(D) अप्पु भट्, रंग भट्, विनायक भट्



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

36. झेजुइत पाद्री दियोगु रिबेयरू हाणी तयार केल्लो पुर्तुगेज-कोंकणी शब्दकोश कितल्या शब्दांचो आशिल्लो ?
(A) 15500 (B) 16500
(C) 19500 (D) 17500

37. लेखक आनी अणकारीत पुस्तक हांच्यो जोड्यो लायात :

| | |
|---|---|
| (1) बाकीबाब बोरकार | (5) आनी तांका मनशांत हाडले |
| (2) प्रकाश थळी | (6) गीताय |
| (3) रवीन्द्र केळेकार | (7) श्री भगवतान गायिल्लें गीत |
| (4) सुरेश आमोणकार | (8) संस्कार |
| | (9) चवकी |

(A) 1 – 6; 2 – 8; 3 – 5; 4 – 7
(B) 1 – 6; 2 – 7; 3 – 8; 4 – 5
(C) 1 – 9; 2 – 5; 3 – 6; 4 – 8
(D) 1 – 8; 2 – 6; 3 – 9; 4 – 5

38. आकाशवाणीच्या मुंबय केंद्राचेर कोंकणी कार्यावळ खंयच्या वर्सा सुरू जाली ?
(A) 1954 (B) 1962
(C) 1965 (D) 1952

39. हातूंतलें खंयचें पुस्तक दत्ता दामोदर नायक हाणी प्रवास वर्णनाचेर बरयलां ?
(A) गोमांचल ते हिमाचल
(B) विवेकानंद पुरमात
(C) कालीघाट ते करुणाघाट
(D) हिमालयांत

40. कन्दवी लिपयेंत आमादेर द सांत आना हाणी बरयल्ल्या कोंकणी ग्रंथाचें नांव कितें ?
(A) जिवित्व रुखाचीं अमृत फळां
(B) सगळ्या वरुसाचें वांजेल
(C) देवाचीं एकांग्र बोलणीं
(D) प्लोस सांक्तोरुंम

41. केरळ-कोचीची ‘कोंकणी भाषा प्रचार सभा’ ही संस्था खंयच्या वर्सा सुरू जाली.
(A) 1965 (B) 1964
(C) 1970 (D) 1966

42. घडणूक आनी तारखांचो मेळ घालात :

| | |
|---|---|
| (1) कोंकणीक राज्यभाशेची मान्यताय | (5) 30 मे 1987 |
| (2) भारतीय संविधानाचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आस्पाव | (6) 4 फेब्रूवारी 1987 |
| (3) ओपिनीयन पोल | (7) 26 फेब्रूवारी 1975 |
| (4) गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो | (8) 16 जानेवारी 1967 |
| | (9) 20 ऑगश्ट 1992 |

(A) 1 – 8; 2 – 6; 3 – 9; 4 – 5
(B) 1 – 6; 2 – 5; 3 – 7; 4 – 8
(C) 1 – 6; 2 – 9; 3 – 8; 4 – 5
(D) 1 – 9; 2 – 8; 3 – 6; 4 – 7

43. काशीनाथ श्रीधर नायक संपादीत देवनागरी कोंकणीतलें ‘नवें गोंय’ हें नेमाळें खंयच्या वर्सा उजवाडा आयलें ?
(A) 1941 (B) 1934
(C) 1940 (D) 1938

44. ‘हांव पिट्टोळ’ ही कविता बरोवपी कवी कोण ?
(A) नुतन साखरदांडे
(B) र.वि. पंडित
(C) प्रताप नायक
(D) माधव बोरकार

45. ‘कोंकणी प्रजेचो आवाज’ हे संघटणेन गोंयात कोंकणी राजभास जावंची म्हण चलयल्लें आंदोलन कितले दीस चल्लें ?
(A) 555 (B) 545
(C) 575 (D) 565

Prepp



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

सकयलो उतारो वाचून त्या उतान्या सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो

तबलें हें वाद्य कोणें आनी केन्ना निर्मिलें हें निश्चितपणान सांगूक येना. कित्याक तशे पुरावे मेळनात. पूण तबलें कशें निर्माण जालें हे विशीं मात कांय गोष्टी वाचूंक मेळटात. कोणें अशें म्हळां : मृदंग जब बीच में काटा गया और दोनों भागों को खडा रखकर बजाया गया 'तब भी बोला' हाचेंच मागीर फुडें 'तबला' ह्या शब्दांत रूपांतर जालें. मृदंगांत जेन्ना हें परिवर्तन जालें तेन्ना मुसलमानी सत्ता आशिल्ली. दरेक वस्तूक उर्दू वा फारसी नांव दिवपाचो तांचो यत्न आसतालो. म्हणून, मृदंग कापून तयार केल्ल्या ह्या वाद्याक 'तब्ल' हें नांव दिलें. कित्याक, फारसी भाशेंत 'तब्ल' म्हणजे अशीं वाद्यां जांचें तोंड वयर आसता आनी सपाट आसता. 'तब्ल' ह्या शब्दाचें मागीर 'तबला' जालें आसूंयेत अशें म्हणटात. मृदंग कातरुन ताचेपासून तबलें घडयलें ही गजाल पटपासारखी ना अशें कांय जाणकारांचें मत आसा. कित्याक मृदंग जर मदीं कातरलो जाल्यार दरेक कातरिल्लो भाग दोनाय वाटांनी उक्तो उरतलो. तबल्याचें खोड वा कळशी ही तर एके वटेन सदांच बंद आसता. आनी ताचें दुसरें तोंड उक्तें आसता जाचेर आमी पुडी घालतात. हाचोच अर्थ मृदंग कातरुन तबलें घडयलें हे गजालीकडेन एक आख्यायिका म्हणून आमकां पळोवचें पडटलें. कांय विद्वानांच्या मतान तबल्याचो उगम पंजाबांत जालो आनी हो उगम मृदंगापासून स्फूर्त घेवन जालो. कित्याक, आजय थंय डग्याक 'आटा' लावन वाजोवपाची पद्धत आसा. प्राचीन शिल्पां, वस्तू हांचो संदर्भ घेवन कांय संशोधकांनी तबलें हें एक भारतीय वाद्य आसा हें अशें मत परगटायलां. 'उर्ध्वक' आनी 'आलिंग्य' ह्या अतिप्राचीन अवनद्ध वाद्यांचें बदलिल्लें रूप म्हणजे तबलें. हो बदल मुघल काळांत घडून आयलो. कांय विद्वान दुर्दुर आनी नक्कारा ह्या प्राचीन वाद्यांक तबल्याचें उगमस्थान मानतात.

**46.** फारशी भाशेंत 'तब्ल' विशीं कितें म्हळां ?
- (A) जाचें तोंड वयर आसता आनी सपाट आसता.
- (B) मृदंग कापून तयार केल्लें वाद्य तब्ल आसा.
- (C) तबलें हें वाद्य कोणे आनी केन्ना निर्मिल्लें हें सांगप कठीण
- (D) तबल्याचो उगम पंजाबात जालो अशें कांय विद्वान म्हणटात.

**47.** हातूंतलें खंयचें विधान बरोबर आसा ?
- (A) मृदंगांत जेन्ना परिवर्तन जालें तेन्ना भारत देशांत ब्रिटिशांची सत्ता आशिल्ली.
- (B) मृदंगांत जेन्ना परिवर्तन जालें तेन्ना भारत देशांत अरबांची सत्ता आशिल्ली.
- (C) मृदंगांत जेन्ना परिवर्तन जालें तेन्ना भारत देशांत मुसलमानी सत्ता आशिल्ली.
- (D) मृदंगांत जेन्ना परिवर्तन जालें तेन्ना भारतात पुर्तुगोजांची सत्ता आशिल्ली.

**48.** 1. तबल्याचें खोड वा कळशी ही तर एके वटेन सदांच बंद आसता.
2. तबलें हें वाद्य कोणें आनी केन्ना निर्मिल्लें हें निश्चितपणान सांगूक येता.
- (A) वयलीं दोनूय वाक्यां बरोबर आसा.
- (B) वयलीं दोनूय वाक्यां चूक आसा.
- (C) पयलें वाक्य बरोबर आसा दुसरें वाक्य चुकिचें आसा.
- (D) पयलें वाक्य चुकिचें आसा. दुसरें वाक्य बरोबर आसा.

**49.** हातूंतलें खंयचें विधान चूक आसा ?
- (A) 'उध्वर्क' आनी 'आलिंग्य' ह्या अतिप्राचीन अवनद्ध वाद्यांचें बदलिल्लें रूप म्हणजें तबलें.
- (B) 'तब्ल' शब्दा वयल्यान 'तबला' शब्द आयला.
- (C) 'दुर्दर' आनी 'नक्कारा' ह्या प्राचीन वाद्यांक तबल्याचें उगमस्थान मानतात.
- (D) 'उध्वर्क' आनी 'आलिंग्य' हाचे अतिप्राचीन अवनद्ध वाद्यांचें संवरिल्लें रूप म्हणजें तबलें

**50.** उतान्याक योग्य माथाळो दियात.
- (A) 'तब भी बोला'
- (B) तबल्याचो इतिहास
- (C) तबलें आनी वाद्य
- (D) संगीत आनी वाद्य



Latest Sarkari Jobs, Govt Exam Results, Vacancies and updates on one click
Know More

Prepp

# Latest Sarkari jobs, Govt Exam alerts, Results and Vacancies

- Latest News and Notification
- Exam Paper Analysis
- Topic-wise weightage
- Previous Year Papers with Answer Key
- Preparation Strategy & Subject-wise Books

To know more **Click Here**

www.prepp.in